गोंय विद्यापीठान एका प्रोजेक्ट स्टाफ पदांखातीर अर्ज मागयल्यात

ता. 3 जानेवारी 2026

गोंय विद्यापीठान गोंय राज्य रिसर्च फांऊडेशन पुरस्कृत **"Comprehensive Analysis of Metals, Pesticides and Microplastics in Coastal Goa: Environmental Monitoring and Toxicity Assessment in Commercially Important Fauna",** ह्या विशया वयल्या प्रकल्पाचेर काम करपाक एका प्रोजेक्ट स्टाफ पदांखातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात.

प्रकल्पाचो कार्यकाळ तीन वर्सांचो आसा आनी म्हयन्याक एकत्रीत 20,000/- रूपया मानधन दितले. उमेदवाराची पिराय 35 वर्सा परस चड आसची न्हय. उमेदवाराक प्राणिशास्त्र विभागात काम करचे पडटले. उमेदवारा कडेन कमीत कमी 55 टक्के गुणांसयत प्राणिशास्त्र विशयात मास्टर पदवी पात्रताय आसपाक जाय. तशेंच उदकातल्या रसायनीक प्रमाणाचे पृथक्करण कामाचो अणभव आसपाक जाय.

मुलाखत 10 जानेवारी 2026 दिसा सकाळी 11.00 वराचेर प्राणिशास्त्र ऑफिस, जीवनशास्त्र आनी जीवतंत्रज्ञान विभागात, गोंय विद्यापीठ हांगा जातली. इत्सुक आनी पात्र उमेदवारांनी आपलो अर्ज विभाग मुखेली डॉ. आवेलिनो डिकॉस्ता हांका बरोवच आनी सकाळी 10.00 मेरेन प्राणिशास्त्र ऑफिसात सादर करचो. उमेदवारांनी अर्जावांगडा आवश्यक दाखले, गुणपत्रिकेच्यो स्वता प्रमाणित केल्ल्यो प्रती सादर करच्यो आनी मुळ दाखले वांगडा घेवन येवचे.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/13

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.